# ई- मार्केटींग वयल्या कार्यशाळेचें उक्तावण

**पणजीः ता. 04 ऑक्टोंबर 2018**

**आश्विन 12, 1940**

भारत सरकाराच्या वाणिज्य मंत्रालयान सरकारी ई-मार्केटींग थळ (जीईएम) हो नॅशनल पोर्टल उपक्रम सुरु केला. ह्या पोर्टलाचेर नोंदणीकृत खरेदेदीदार आनी विक्रेत्यांक पारदर्शक आनी सोंपेपणी वेव्हार करपाक मेळचो हो ह्या उपक्रमाचो उद्देश आसून ह्या उपक्रमाची खरेदीदारांक आनी विक्रेत्यांक माहिती करुन दिवपा खातीर काल पणजे ईडीसीच्या सभाघरांत कार्यशाळेचें आयोजन केलें. वीज मंत्री श्री. निलेश काब्राल हांच्या हस्तुकीं ह्या कार्यशाळेचें उक्तावण जालें.

कार्यशाळेच्या उक्तावण कार्यक्रमांत उलयतना श्री. काब्राल हांणी सांगलें, ह्या पोर्टला वयल्यान वेव्हार करुन विक्रेतो आपल्या उत्पादनाचेर शंभर प्रतिशे फायदो मेळोवंक शकता. ह्या पोर्टला वयल्यान जावपी वेव्हाराचेर सरकारा कडल्यान वेगळे कमिशन वा मोल आकारपाक येना. तशेंच खरेदीदारांक योग्य मोलान उत्पादन मेळपाक ह्या पोर्टलाचो फायदो जाता. आयच्या माहिती आनी तंत्रज्ञानाच्या युगांत मनशाचो संपर्क कमी जाला. आयज प्रत्येक वस्तू ऑनलायन खरेदी करप जाता. जगांत वाणिज्य मळा वयल्या वेव्हारांत नेटान बदल जायत आसा. अशी पोर्टल सुविधा सुरु करुन सरकारान विक्रेते आनी खरेदीदारांक बरी सेवा दिल्ली आसा अशें श्री. काब्राल हांणी फुडें म्हटलें.

आयच्या स्पर्धात्मक युगांत ह्या पोर्टलाक लागून विक्रेत्यांची वळख देशभरांत जातली. ज्या वेव्हारांत पारदर्शकता आसता, तो वेव्हार चड लोकां मेरेन पावता. हो पोर्टल उत्पादन विक्रींत वाढ जावपाक नक्कीच फायदेशीर थारतलो. वेवसायिकांनी हाचो योग्य लांव घेवचो अशेंय तांणी सांगलें.

वित्त सचीव श्री. दौलत हवालदार हांणी भारत सरकाराच्या ह्या नव्या उपक्रमाचें खूप फायदे आशिल्ल्याचें सांगून ह्या पोर्टला वयल्यान कॅशलेस, पेपरलेस आनी संपर्का विना सेवा मेळटली अशें सांगलें.

जीईएम उपक्रमाचें उप-मुख्य कार्यकारी अधिकारी श्रीमती मंजू शर्मा हांणी पोर्टला विशीं माहिती दितना ह्या पोर्टला वयली सेवा पारदर्शक, जलद आनी सोयिस्कर आसतली अशें सांगलें. केंद्र सरकारचे सगळे विभाग आनी संस्था ह्या पोर्टल सेवेचो वापर करतात, अशेंय तांणी सांगलें.

ह्या वेळार उपस्थितांमदीं गोंय सरकारच्या उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य खात्याचे संचालक श्री. व्ही. पी. डांगी, ईडीसीचे वेवस्थापकीय संचालक श्री. के.व्ही.बाळळीकार, अतिरिक्त वित्त सचीव श्री. मायकल डिसौझा हांचो आस्पाव आशिल्लो.

सुरवेक गोंय हस्तकला महामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक श्री. राजेंद्र सातार्डेकर हांणी येवकाराचें उलोवप केलें. ईडीसीचे सरवेवस्थापक श्री. कार्लोस डिसौझा हांणी कार्यक्रमाचें सुत्रसंचालन केलें.

**मा/वाप/टीएसएस/विगां/अगा/सुना/2018/1621**